03.११.२०२५ 7.20 pm

- संसदीय वर्गीकृत जाती आनी वर्गीकृत जमाती कल्याण समिती 6 आनी 7 नोव्हेंबर क गोंय राज्याच्या अभ्यास भेटीर येतली
- गोवा तियात्र अकादेमीचे उदेंत्या तियात्र कलाकारां खातीर दिवपी यंग अचीवर्स पुरस्कार जाहीर जाल्यात.
- 5 नोव्हेंबराक विठ्ठलापूर सांखळी हांगा त्रिपुरारी पुनव उत्सव मनयतले.

DIP 60

संसदीय वर्गीकृत जाती आनी वर्गीकृत जमाती कल्याण समिती 6 आनी 7 नोव्हेंबर क गोंय राज्याच्या अभ्यास भेटीर येतली. समिती वेगवेगळ्या सरकारी विभाग, भौशीक यंत्रणां आनी स्वायत्त संस्थां कडल्या एससी आनी एसटी च्या निवेदनांचो अभ्यास करतली.समिती मुख्य सचीव आनी वरिश्ठ सरकारी अधिकाऱ्यांकडेन गोंयच्या वर्गीकृत जाती आनी वर्गीकृत जमातींच्या सामाजीक-आर्थिक आनी शिक्षणीक परिस्थितीचेर चर्चा करतली. ह्या समाजांचे संविधानीक हक्क आनी कल्याणा खातीर अंमलबजावणी करपी कार्यक्रमाचो नियाळय समिती घेतली.

सुभाष 160

दक्षिण गोंय जिल्लो मडगांव शाळा संकुल पत सहकारी संस्थेन मडगांव आनी फोंडा तालुक्यातल्या दरेक उच्च माध्यमिक विद्यालयात मार्च २०२५ बारावेच्या परीक्षेत पयल्या क्रमांकान उत्तीर्ण जाल्ल्या विद्यार्थ्यांचो भोवमान सुवाळो घडोवन हाडला. मडगांव शाळा संकुल को-ऑपरेटिव्ह क्रेडीट सोसायटी लिमिटेड ही गोंय राज्यांतली एकमेव क्रेडीट सोसायटी जी पुराय दक्षिण गोंय जिल्ह्यांत शिक्षणाच्या मळार वावुरपी लोकांक सेवा दिता. ही सोसायटी १९८० वर्सा ३६ शिक्षकांनी ३ हजार सशें रुपया भाग भांडवलान सुरू केल्ली. सुर्वेक साल्सेत तालुक्याच्या शिक्षकांक अर्थीक सेवा दिवन संस्थेन आपल्या कामाक सुरवात केली. आज ह्या संस्थेकडेन ३ कोटी ७३ लाख रुपया भाग भांडवल आसा. ही संस्था दर वर्सा आमच्या वांगड्याच्या भुरग्यांचे परीक्षेत बरे येश मेळयल्ल्या खातीर भोवमान करता. ओंदू फोंडा तालुक्यातल्या उच्च माध्यमिक आनी माध्यमिक शाळांच्या गुणवंत भुरग्यांचो भोवमान जातलो अशें दक्षिण गोंय जिल्लो मडगांव शाळा संकुल पत सहकारी संस्थेन कळींत केलां.१६ नोव्हेंबर २०२५ दिसा आयतारा सकाळीं १० वरांचेर गोवा मार्केटिंग आनी फेडरेशन हॉल बेतोडा हांगा ही कार्यावळ जातली. शाळांच्या मुख्याध्यापकांनी शिश्यवृत्ती खातीरचे अर्ज बेगोबेग धाडचे अशें दक्षिण गोंय जिल्लो मडगांव शाळा संकुल पत सहकारी संस्थेन मागलां

Ganesh 120

कोकणी भास वेगवेगळ्या तरेन उलयतात. हाका लागून प्रमाणीकरणाची धावपळ नाका मात प्रमाणीकरण तशेच हेर वावर सुरूच दवरपाक जाय, अशें मत एनआरआय आयुक्त

ॲड. नरेंद्र सावयकार हांणी उक्तायलें. ते खांडोळा हांगा सरकारी म्हाविद्यालयात कोकणी तांत्रीक अणकाराच्या प्रमाणपत्र अभ्यासक्रमाच्या उक्तावणाक मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. खांडोळा सरकारी म्हाविद्यालयान राजभास संचालनालयाच्या जोडपालवान ८ नोव्हेंबर मजगती चल्पी ह्या अभ्यासक्रमाचे आयोजन केलां. बऱ्याच संघर्शा उपरांत कोंकणी ही गोंयची राजभास जाली. ती लोकांची भास आसली तरी प्रशासन तशेच न्यायालयात वापर जावपा खातीर बरेच कश्ट घेवचे पडटात. सरकाराचे आदेश, घोशणा तशेच धोरणा लोकां मेरेन लोकांच्या भाशेत पावपाक जाय. हाका लागून सरकारी धोरणा, आदेश, निवाडे कोकणीत अणकारीत करप हे एक आव्हान आसा, अशें ॲड. सावयकार हांणी सांगलें. राजभास संचालक मेघनाथ पोरोब हाणी राजभास कायद्याच्या कार्यवाये खातीर अणकारकांची गरज आशिल्ल्याचे सांगले. डॉ. प्रकाश वजरीकार हांणी अभ्यासक्रम हेत आनी स्वरूप स्पश्ट केले.

सुशांत 130

गोवा तियात्र अकादेमीचे उदेंत्या तियात्र कलाकारां खातीर दिवपी यंग अचीवर्स पुरस्कार जाहीर जाल्यात. फेविला फर्नांडीस, मारिया आफोन्सो, एस्टन सुआरिस आनी पियर्सन डीकोस्ता ह्या चार जाणांक अंदू वर्सांचे पुरस्कार जाहीर जाल्यात. फेविला फर्नांडीस ही पारोडा-केपेची 25 वर्सां पिरायेची कलाकार. तिने संगीतकार म्हणून तियात्र माचयेर आपली सुवात तयार केल्या. ते आदीं तिका सगळ्यांत यंगेस्ट मुझिकल क्वीन हो पुरस्कार फावो जाल्लो. मारिया आफोंसो ही कुंभारजुवेची कलाकार. आतां मेरेन तिणे 25 परस चड तियात्रात काम केलां. तिच्या अभिनया खातीर तिणे नामना जोडल्या. एस्टन सुआरीस हो मडगांवचो तरणाटो कलाकार जो आपल्या अभिनय आनी गायना खातीर फामाद आसा, जाल्यार पियर्सन डी'कोस्ता हो नावेलीचो तरणाटो कलाकार जो एक उदेंतो लेखक आनी दिग्दर्शक आसा. ह्या सगल्या कलाकारांक गोवा तियात्र अकादेमीचो अध्यक्ष अँथनी बार्बोझ हांणी परबीं दिल्यां. ह्या पुरस्कार सुवाळ्याची तारीख बेगीनच जाहीर करतले अशें अकादेमीन उजवाडायिल्ल्या खबरेत म्हळां.

DIP 130

कला आनी संस्कृती संचालनालय, पर्यटन खाते, पर्यटन विकास म्हामंडळ, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, दिपावली उत्सव समिती आनी श्री विठ्ठल देवस्थान समिती हांच्या सहकार्यान 5 नोव्हेंबराक विठ्ठलापूर सांखळी हांगा त्रिपुरारी पुनव उत्सव मनयतले. त्रिपुरारी पुनवेच्या उत्सवानिमतान विंगड विंगड कार्यक्रमांचे आयोजन करतले. सांजेच्या 7.00 वरांचेर भगवान श्रीकृष्ण मिरवणूक, उपरांत वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात दीपदानाचो कार्यक्रम जातलो. 7.30 वरांचेर श्री पांडुरंग देवस्थानच्या प्रांगणात सांस्कृतिक कार्यक्रम, रातच्या 10.30 वरांचेर श्री विठ्ठल-रखुमाईची पालखी मिरवणूक आनी उपरांत पारंपरीक सारंग दिवे मळबात सोडपाचो कार्यक्रम जातलो. पारंपरीक नौकाविहार सर्त रातच्या 10.30 ते 12.00 वरां मेरेन जातली. वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात जावपी नौकाविहार सर्त ही उत्सवाचे खाशेले आकर्शण आसा आनी गोंयासयत शेजारच्या राज्यांतल्यान हजारांनी भाविक ही सर्त पळोवपाक येतात. नौकाविहार सर्तींत पर्यावरणपूरक नौकांचो

सहभाग आसता. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन श्री विठ्ठल-रखुमाई मंदीराच्या प्राकारात ‘गोंयचें रस्ते आनी म्हामार्ग’ ह्या विशयाचेर फोटो प्रदर्शन आयोजीत करतले.

DIP 110

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळान 9 डिसेंबर आनी 10 डिसेंबर क दनपारां 3.00 ते 5.30 मेरेन शिक्षक पात्रताय परिक्षा घेवपाचो निर्णय घेतला. ही परिक्षा संगणका आदारीत चांचणी स्वरूपांत जातली. उत्तर गोंयांतल्या सेंट झेवियर उच्च माध्यमीक शाळा, मापसा आनी दक्षिण गोंयांतल्या नावेली, हांगाच्या रोझरी उच्च माध्यमीक शाळा ह्या दोन केंद्रांनी चलतली. वर्ग पयली ते 8वी मेरेन शिक्षक म्हणून काम करपाक सोदपी सगल्या □त्सुकानी ही परीक्षा उत्तीर्ण जावची पडटा. ऑनलायन अर्ज सादर करपाची तारीक 1 ते 15 नोव्हेंबर 2025 मेरेन आसा.बायोमेट्रीक नोंदणी आनी प्रशिक्षण 5 आनी 6 डिसेंबर 2025 क उमेदवारांनी वेंचलेल्या त्या त्या परिक्षा केंद्रांत जातली दिव्यांग उमेदवारांक परिक्षा शुल्क भरपाक सुट दिल्या.□त्सूक उमेदवारांनी www.gbshse.in ह्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्या गोंय मंडळाच्या जीटीईटी पोर्टला वरवीं ऑनलायन अर्ज करचो.

आयुष ६०

आयुश मंत्रालय 2 ऑक्टोबर ते 31 ऑक्टोबर 2025 मेरेन राबोवपी खाशेली मोहीम 5.0 खाला कार्यक्षमता, पारदर्शकता आनी नितळसाणे खातीर मोहीम राब्ली . ही मोहीम प्रशासकीय प्रक्रिया सुलभ करप, रेकॉर्ड व्यवस्थापन सुधारप आणि सगळ्या आयुष संस्थांमदी शाश्वत स्वच्छता आणि भौशीक कागाळ निवारणाक प्रोत्साहन दिवप हाचेर लक्ष केंद्रित करता. मोहिमेक लागून मंत्रालयान जायत्या निकषांचेर लक्षणीय प्रगती साधली. वट्ट 658 भौशीक कागाळी आनी 59 भौशीक कागाळींचे अपील निकालात काढले.

महेश 45

राज्यात वेगवेगळेकडे शेनिल्ले आणि चोरी जाल्या 13 लाख रुपये किंमतीच्या 55 मोबा□ल्सचो शोध घेऊन आज पोलिसांनी ते मोबा□ल मालकांकडे सोपयले.पणजी पोलिस मुख्यालयात पोलिस म्हसंचालक अलोक कुमार आणि पोलिस म्हनिरीक्षक कें आर चौरसिया तसेच उत्तर गोवा पोलिस अधीक्षक राहुल गुप्ता यांच्या उपस्थिती 55 मोबा□ल्स मालकाकडे सुपूर्द केले

Dip 170

पशुसंवर्धन आणि पशुव□कीय सेवा संचालनालयान सर्वसामान्य जनता आणि पाळीव प्राण्यांच्या मालकांक कळीत केला कि राज्यात काय वाठारांनी हालीच कुत्र्यांक जावपी कॅना□न डिस्टेंपर या संसर्गजन्य दुयेसाचे दुयेती सापडल्यात. हे दुयेस कॅना□न डिस्टेंपर विषाणूक लागून जाता जो प्रामुख्यान लसीकरण न केल्या वा अपूर्ण लसीकरण जाल्या कुत्र्यांक जाता. कॅना□न डिस्टेंपरची लक्षणा केन्ना केन्ना रेबीजसारखी असतात असे लक्षात आयला जाका लागून लोकांमदी भय य़ता. कॅना□न डिस्टेंपर दुयेस मनशा मदी

पसरना. तर फक्त श्वसनाच्या थेंबयावरवी , लाळेत्ल्यान  वा संक्रमित प्राण्यांच्या मूत आणि विष्ठेच्या संपर्काण  कुत्र्यांपासून कुत्र्यांमदी पातळता

कॅना□न डिस्टेंपर रोगाची सुरुवातीची लक्षणा म्हणजे जोर मंदपणा आणि भूक न लागप , नाक आणि डोळ्यांतल्यान उदक  वा पुचो  स्त्राव,  खोकलो  आणि श्वास घेवपाक त्रास काय  प्रकरणांणी ओकारी आणि अतिसार आणि नाक आणि पंजाचे पॅड कडक जावप अशी लक्षण दिसतात. हे दुयेस वाढत असताना, विषाणू मज्जासंस्थेर परिणाम करत ज्याका लागून  स्नायू मुरगळप  वा आकुंचन पावप, , आंशिक वा पूर्ण अर्धांगवायू आणि डोके झुकप , वर्तुळाकार हालचाली आणि झटके येवप .

या दुयेसा खातीर लसीकरण हो  सगळ्यात प्रभावी प्रतिबंधात्मक उपाय. प्राण्यांच्या मालकांनी त्यांच्या कुत्र्यांना पशुवद्यकीय वेळापत्रकानुसार वेळेवर आणि नियमित लसीकरण करचे

Sports 70

सनलाईट स्पोर्टस अँड कल्चरल क्लबन गोवा बॅडमिंटन असोसिएशन आनी  गोवा खेळ प्राधिकरणच्या सहकार्यान घेतलेल्या राज्य मानांकन बॅडमिंटन स्पर्धेत ११ वर्षां सकय्ल्या एकोडीत चल्यामदी अव्वल मानांकित अयांश संके व तृतीय मानांकित अणव कण्णेकर, तर चलया मदी अमायरा धुमटकर आनी कोमल कोठारी यांच्यात अंतिम लढत आसा.
उपांत्य फेरीत अयांश संकन सुवेन सावंत, तर अणव याने व्हियान रेडकर हाचे  ऐत मेळ्यले  चलयाच्या उपांत्य लढतीत अव्वल मानांकित अमायरानहिने भार्गवी आमशेकर हाका , तर कोमलान याशिका कोनेरू हिला हरायले.

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 23.4  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी ह्ल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता